**लोहिया मैदानाचे सुशोभिकरणाचे काम प्राधान्यक्रमान हातांत घेतलें-कवळेकर**

ता. 23 मार्च 2021

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन मडगांवच्या लोहिया मैदानाचेर आयोजीत कार्यक्रमात डॉ. राम मनोहर लोहिया हांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. स्वातंत्र्य सेनानी डॉ. लोहिया हांची आयज राज्यांत १११ वी जयंती मनयली. लोहिया मैदानाचेर आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना श्री. कवळेकर हांणी डॉ. राम मनोहर लोहिया हांच्या गोंय मुक्ती चळवळीतल्या योगदानाचो उगडास करून इतिहासिक लोहिया मैदानाचे सुशोभिकरण आनी नूतनीकरणाचे काम प्राधान्यान हातांत घेतलें, म्हणपाचे सांगलें.

लोहिया मैदान हे मडगांवचो गौरव जावन आसा. हे मैदान आमची देशभक्ती जागयता आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचे प्रतीक आसा. नव्या पिळगेमदी ह्या मैदानाचे म्हत्व आनी डॉ. लोहिया हांच्या योगदानाविशीं जागरूकताय निर्माण करपाखातीर हो कार्यक्रम आयोजीत करपात आयला. आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी दिल्ल्या मोलादीक योगदानाचे आनी त्यागाचे सरकार कदर करता. आमी हो गौरव फुडल्या पिळग्यांखातीर राखून दवरपाक जाय आनी त्याखातीर अशां इतिहासीक स्थळांचे सुशोभिकरण आनी नूतनीकरण करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगले.

डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकाराची दोन वर्सां पूर्ण जायत आसून राज्य आनी लोकांच्या सर्वांगीण विकासाखातीर आमचे प्रयत्न सतत चालू आसतलें अशें श्री. कवळेकर हांणी म्हणले.

ह्या वेळार मडगांवच्या रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष श्री. दामू नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे जोड संचालक श्री. रमेश नाईक, म्हायती अधिकारी श्री. ऑल्विन पेरेरा, 18 जून क्रातिदीस समितीचे अध्यक्ष श्री. अविनाश शिरोडकर, दक्षीण गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे सचिव श्री. वामन

प्रभूगांवकर, स्वातंत्र्यसैनिक श्री. गोपाळ चितारी आनी हेर उपस्थित आशिल्ले.

कार्यक्रमाच्या सुरूवातीक मानेस्तांनी डॉ लोहिया हांच्या पुतळ्याक फुलाहांर घातले आनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपली. ऑल्विन पेरेरा हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. जाल्यार माहिती सहाय्यक श्रीमती. जान्हवी सावईकर हांणी कार्यावळीचे सूत्रसंचालन केले आनी निमाणे उपकार मानले.

उपरांत थळाव्या आप मजत गटांनी सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर केलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/339

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji